**Panaji national**

**16.1.25 at 6.30pm**

## मुर्मू

स्पेस डॉकिंग प्रयोग स्पॅडेक्स ह्या अंतर्गत दोन उपग्रहांचे स्पेस डॉकिंग यशस्वीरित्या केल्याबद्दल आनी भारताची अंतरिक्ष क्षमता वाडोवपा खातीर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी इसरो आनी देशांतल्या पुराय शास्त्रीय आनी अभियांत्रिकी समुदायाक परबीं दिल्यां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत राष्ट्रपतीनी सांगलें की,ह्या इतिहासीक पावंड्या सयत भारत हो स्पेस डॉकिंग क्षमता प्रदर्शित करपी चवथो देश जाला. भारताचें नियोजीत अंतरिक्ष केंद्र, चंद्रयान-4, गगनयन अशा अंतरिक्ष संशोधनांतल्या देशाच्या फुडाराच्या यत्नांक वाट मेकळी जाता अशें तिणें सांगलें.

## मन की बात ११५

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी येता त्या १९ जानेवारीक आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यावळींतल्यांन देश विदेशांतल्या लोकांकडेन संवाद साधतले. हो तांचो म्हयन्याळ्या रेडियो कार्यावळीचो एकशें अठरावो भाग आसतलो.

लोकांनीं ह्या कार्यावळी खातीर तांच्यो कल्पनां आनी सुचोवण्यो १८००-११- ७८०० ह्या टोल-फ्री क्रमांकाचेर दीवं येता. तशेंच नरेंद्र मोदी ॲप वा माय-गोव्ह उक्त्या मंचावरवीं तांचे विचार ऑनलायन धाडपाची सुविधा आसा. ह्या भागा खातीर १७ जानेवारी मेरेन सुचोवण्यो स्विकारतले.

आकाशवाणी, दुरदर्शनाच्या सगळ्या नॅटवर्कांचेर, ए.आय.आर न्यूज संकेतथळाचेर आनी न्यूज ऑन ॲअर मोबायल ॲपाचेर ही कार्यावळ प्रसारीत जातली.

तशेंच ए.आय.आर न्यूज , डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या यूट्यूब चॅनलांचेर लेगीत हे कार्यावळीचें थेट प्रसारण दाखयतले. हिंदी प्रसारणा उपरांत आकाशवाणी सगळ्या थळाव्या भासांतल्यान ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

**स्टार्टअप**

आयज भारतांत स्टार्टअप इंडियाचें णववें वर्स साधताना देशांत स्टार्टअपांची संस्कृताय वाडोवपा खातीर सरकार कसलीच कसर दवरी ना अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी फाटल्या णव वर्सांत ह्या परिवर्तनकारी कार्यावळीन असंख्य तरणाट्यांक सशक्त केल्या, च्या नाविन्यपूर्ण कल्पनांचें रुपांतर यशस्वी स्टार्टअपांत केलां अशें मोदी हांणी सांगलें. सरकारी धोरणां 'वेवसाय सुलभतेर, साधनसुविधांचो चड वापर सुनिश्चीत करप आनी दर एका पांवड्यार स्टार्टअपांक आदार दिवप हाचेर भर दितात अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी फुडें सांगलें. देशांतल्या तरणाट्यांक जोखीम घेवपाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर सरकार नवनिर्माण केंद्रांक सक्रीयपणान चालना दिता अशें तांणी सांगलें. स्टार्टअप इंडिया कार्यावळीच्या यशा वयल्यान आयज देश गतीशील, आत्मविश्वासू आनी फुडारा खातीर तयार आसा हें दाखयता अशें मोदी हांणी स्पश्ट केलें. दरेका तरणाट्याक स्टार्टअप सुरू करपाचो उलो प्रधानमंत्र्यान मारला.

## थर्मन

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी आज राष्ट्रपती भवनात सिंगापूरचे राष्ट्रपती थरमन षण्मुग रत्नम यांचे औपचारिक स्वागत केले. ह्या वेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीय हाजीर आशिल्ले.

ह्या काऱ्यक्रमांत मिडियाक संबोधीत करतना सिंगापूरचे अध्यक्ष थरमन षण्मुग रत्नम हांणी दोनूय देश शाश्वतताआनी डिजिटल मळार नव्या उपक्रमांचो सोद घेतात अशें सांगले. सिंगापूरां आनी गुजराततल्या गिफ्ट सिटी मदीं वित्तीय संस्थां खातीर डेटा कॉरिडोर आनी दोनूय देशां मदीं आनीक एक अक्षय उर्जा कॉरिडोर तयार जावपाची शक्यताय तांणी उक्तायली. आतां दोनूय देश ह्या सक्रिय संबंदाक एक व्यापक धोरणात्मक भागीदारी करपाक सोदतात आनी अर्दवायू, नवीन पिळगी आनी नेट झीरो औद्योगिक पार्कत सहकार्य उत्पादन विस्तार अशे नवे उपक्रम सोदून काडपाक सोदतात अशें तांणी सांगलें.

## चंद्रन

न्यायाधीश के विनोद चंद्रन हांणी आयज सर्वोच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश म्हणून सोपूत घेतलो. भारताचे मुखेल न्यायाधीश संजीव खन्ना हांणी न्यायमूर्ती चंद्रन हांका पदाचो सोपूत दिलो. सर्वोच्च न्यायालयाच्या कॉलेजीयमाच्या शिफारशी प्रमाण पाटणा उच्च न्यायालयाचे मुखेल न्यायाधीश न्यायमूर्ती चंद्रन हांची सर्वोच्च न्यायालयांत नेमणूक करपाक केंद्रान सोमारा मान्यताय दिल्या.

न्यायमूर्ती चंद्रन केरळ उच्च न्यायालयांतय न्यायाधीश म्हणून काम केलां.

**प्रजासत्ताक दीस**

अंदूं शात्तराव्या प्रजासत्ताक दीसाच्या सुवाळ्यांत इंडोनेशियाचे राष्ट्राध्यक्ष प्रबोवो सुबियांतो मुखेल सोयरो आसतल. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या आमंत्रणावयल्यान राष्ट्राध्यक्ष सुबियांतो 25 आनी 26 जानेवारीक भारताच्या भेटीर आसताले . परराश्ट्र मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण ऑक्टोबर 2024 वर्सा पदभार स्वीकारिल्ल्या उपरांत राष्ट्राध्यक्ष प्रबोवोची ही पयली भारत भेट आसतली.ह्या भेटेक लागून दोनूय फुडाऱ्यांक द्‌विपक्षीय संबंदांची व्यापक नियाळ घेवपाची तशेंच प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर चर्चा करपाची संद मेळटली . भारत आनी इंडोनेशिया ह्या दोनूय देशांमदीं इश्टागतीचे संबंद आसात. एक व्यापक धोरणात्मक भागीदार म्हणून, इंडोनेशिया होइंडो-पॅसिफिक प्रदेशातलो भारताचो एक महत्त्वाचो आधारस्तंभ आसा.

-----------